**Panaji regional news 21 dec 2025,7.20pm**

## राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू

रोजगर आनी अजीविका मिशन (ग्रामीन) (विक्षित भारत-जी राम जी) विधेयक, 2025 खातीर विक्षित भारत-गॅरंटी खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी संमती दिल्या, हाचे पयलीं संसदेन गिमाच्या अधिवेशनांत संमत केल्ली. ह्या कायद्यान ग्रामीण घरां खातीर कायदेशीर पगाराची रोजगार हमी दर अर्थीक वर्सा 125 दीस मेरेन वाडयल्या. ग्रामीण रोजगार धोरणाच्या रुपांतरांत हो एक म्हत्वाचो मार्गदर्शक फातर थारता अशें ग्रामीण उदरगत मंत्रालयान उक्तायलें. सशक्तीकरण, समावेशक वाड, उदरगतीच्या उपक्रमांचें अभिसरण आनी संतृप्ती आदारीत वितरण मुखार व्हरपाचो यत्न ह्या कायद्यांत केला अशें तातूंत जोडलां.

## जिल्हो पंचायत मतमेजणी 150

जिल्हो पंंचायत वेंंचणुके खातीर विक्रमी म्हंंजेच 70.81 टक्के मतदान जाल्यान निकालाविशी सगळ्याक उमळशीक आसा. फाल्या 14 सुवातेर सकाळी 8 वराचेर मतमेजणीक सुरवात जातली. बार्देश, साश्ट आनी फोंडा म्हालात दरेकी दोन सुवातांचेर मतमेजणी जातली. दनपार मेरेन चित्र स्पश्ट जातलें, अशी म्हायती राज्य वेंचणुक आयोगाच्या गोपानी दिली. मतमेजणी जाल्या उपरांंत अध्यक्ष तशेच उपाध्यक्ष पद निवडीच्यो हालचाली सुरू जातल्यो. दादल्यांं परस बायलांंच्या मतदानाचे प्रमाण चड आसा. उत्तर तशेच दक्षीण गोंंयांंत हे खेपो दादल्यांं परस बायलांं मतदारांंचो आकडो चड आशिल्लो. मतदाना उपरांंत सगळ्यो मतपेट्यो म्हालाच्या सुवातेर खर पुलीस बंंदोबस्तात स्ट्रॉंंग रूमान दवरल्या.पेडणे मल्टीपर्पज खेळा स्टेडियम, बार्देश - पेडे खेळा संंकूल, बॉक्सींंग सभाघर आनी बॅडमिंंटन सभाघर, ताळगाव : डॉ. श्यामाप्रमसाद मुखर्जी स्टेडियम,दिवचल नारायण झाट्ये सभाघर, वाळपय : कदंंबा बस स्टँड हॉल, फर्मागुडी सरकारी आयटीआय सभाघर, मडगाव माथानी साल्ढाणा संंकूल (उत्तरेची बाजू) आनी (दक्षिणेची बाजू), धारबांंदोडा सरकारी कार्यालय संकूल, सांंगे सरकारी खेळा संंकूल, केपे - बोरीमळ सरकारी खेळा संकूल, काणकोण सरकारी उच्च माध्यमिक विद्यालय हांंगा मतमेजणी जातली.

## अंजू तिंबलो आनी सचिन लवंदे हांका प्राइड ऑफ गोवा पुरस्कार

मडगांव : नामनेच्यो उद्देजिका अंजू तिंबलो आनी सचिन लवंदे हांकां काशीनाथ दामोदर नायक मेमोरियल प्राइड ऑफ गोवा पुरस्कार जाहीर केल्यातहे पुरस्कार गोंय चेंबर ऑफ कॉमर्स हे संस्थेवतीन दितात. पुरस्कार वितरण सुवाळो 27 डिसेंबराक सांजवेळा 5 वरांचेर मडगावच्या विद्या निकेतन सभाघरांत जातलो अशी म्हायती सुवाळ्याचे निमंत्रक दत्ता दामोदर नायक हांणी दिल्या.

## फोंडा तालुक्यांतल्या जिल्लो पंचायत

फोंडा तालुक्यांतल्या जिल्लो पंचायतीच्या सात जाग्यांचेर वट्ट 74.78% मतदान नोंद जालां. सगळ्यांत चड 82.93% मतदान उजगांव गंजे आनी सगळ्यांत उणें 68.55% मतदान कवळे मतदारसंघांत जाला. एकंदर वेंचणुकेची प्रक्रिया शांततायेन चलताली. फाल्यां सोमारा 22 तारखेक सकाळीं 9 वरांचेर फार्मागुडीच्या आयटीआय कॉलेजींत सगल्या सात मतदारसंघांची मतांची मेजणी जातली आनी निकाल जाहीर जातलो. फोंडा तालुक्यांतल्या सात जाग्यांचेर वट्ट 27 उमेदवार मळार आशिल्ले. सकाळीं सावन वेगान चलपी मतदानाची टक्केवारी दनपारां उपरांत वाडली. शिरोडा मतदारसंघांत वट्ट 69.96% मतदान जालां. ह्या मतदारसंघांत चार उमेदवार मळार आशिल्ले. बोरी जिल्हो पंचायत मतदारसंघांत वट्ट 72.83% मतदान नोंद जाला. ह्या मतदारसंघांत वट्ट पांच उमेदवार मैदानाचेर आशिल्ले. उसगांव गांजे जिल्हा पंचायत मतदारसंघांत वट्ट 82.93% मतदान जालां. ह्या मतदारसंघांत वट्ट चार उमेदवार मैदानाचेर आशिल्ले. कुरटी मतदारसंघांत 74.67 टक्के मतदान जाला या मतदारसंघात चार उमेदवार मैदानाचेर आशिल्ले. कवळे मतदारसंघांत 68.55 टक्के मतदान जाले . या मतदारसंघात दोन उमेदवार मैदानांत आशिल्ले. बेतकी खंडोला मतदारसंघांत 81.32 टक्के मतदान झाले आनी हंगा चार उमेदवार मैदानांत आशिल्ले. वेलिंग प्रियोळ मतदारसंघांत 73.23 टक्के मतदान जालें आनी चार उमेदवार मैदानात आशिल्ले.

**उतोरडा हांगा शेकाक**

मडगाव : उतोरडा हांगा आज फातोडेर  एका शेकाक उजो लागपाची घडणूक घडली. ह्या उज्यात १० लाख रुपयांचे लुकसाण जालां असो अदमास उक्तायला. स्नेहा नोरोन्हा हांच्या मालकीचो हो शेक आसून, उज्याचें खरें कारण स्पश्ट जावंक ना. चवकशेंत ह्या शेकाक उजो पालोवपी दळाचो परवानो नासलो आनी थंय उजो पालोवपाचे उपायय नासले अशें दिसून आयले. हे घडणुकेची म्हायती मेळ्ळे बरोबर वेर्णा उजो पालोवपी दळाचे अधिकारी दिलेश गांवकार हांच्या मार्गदर्शना खाला कर्मचाऱ्यांनी थळार वचून उजो पालोवपाचो यत्न केलो. हे खातीर वेर्णा आनी मार्गांव उजो पालोवपी दळाच्या दरेकीं एक उजो पालोवपी इंजिन वापरलें. वेर्णा उजो पालोवपी दळाच्या कार्यालया कडेन संपर्क सादलो तेन्ना वयलो उजो पालोवपी अपघात सकाळीं 4:45 वरांचे सुमाराक जाल्ल्याचें सांगलें. शॉर्ट सर्किटाक लागून उजो सुरू जावंक शकता असो अदमास आसा. तपासांत उज्याचें खरें कारण स्पश्ट जातले अशें अधिकाऱ्यांनी सांगले.

**"स्मार्ट साधनां, स्मार्टर सेवा**

गोंय सरकाराच्या उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या सहकार्यान स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळ, बोरीच्या ग्रंथालय विभागान "स्मार्ट साधनां, स्मार्टर सेवा: ग्रंथालय संसाधन हाताळणी कार्यशाळा" ह्या विशयाचेर दोन दिसांची राष्ट्रीय कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. ही कार्यशाळा 19 ते 20 जानेवारी 2026 दिसा पणजेच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या बहुउद्देशीय सभाघरत जातली.म्हाविद्यालयाच्या अंतर्गत गुणवत्ता आश्वासन कक्ष (आयक्यूएसी) आनी ग्रंथालय आनी म्हायती विज्ञान विभागान आयोजीत केल्ल्या हे कार्यशाळेचो उद्देश म्हळ्यार ग्रंथालय वेवसायिकांक आधुनीक तंत्रीक कुशळटाय आनी अभिनव तंत्रां दिवन सज्ज करप, ग्रंथालय सेवा वाडोवप आनी सगळ्यांक सुलभ करप. मुखेल वक्ते डॉ.संगीत कौल आनी ह्या मळार हेर तज्ञांच्या मार्गदर्शना खाला हातमाग सत्रां कार्यशाळेंत आसतल्यो. मुखेल विशयांत कृत्रीम बुद्धी आदारीत वर्गीकरण प्रणाली, संस्था संग्रह, नदरेक अपंगत्व आशिल्ल्या वापरप्यां खातीर संगणक साक्षरताय उपाय, तशेंच समावेशक आनी वापरप्यांक सोंपें अशें लायब्ररी वातावरण तयार करपा खातीर उत्तम पद्दतींचो आस्पाव

आसतलो.पारंपारीक वाचनालय सेवा आनी डिजिटल युगाच्यो मागणी हांचे मदलो फरक भरपा खातीर ही कार्यशाळा तयार केल्या अशें कार्यशाळेची समन्वयक आनी कॉलेजीची ग्रंथालयीन श्रीमती . सोनिया मुकेश देसाय. हाणी म्हळा “आमचो हेत म्हणल्यार ग्रंथालयीन स्मार्ट साधनां सज्ज करप, जाका लागून तांकां सगळ्या वापरप्यांक हुशार, चड समावेशक सेवा दिवंक मेळटली.”महाविद्यालयाच्या प्राचार्य प्रा.अच्युत पेडनेकार हांणी ग्रंथालय वेवसायिकांक सक्रीयपणान वांटो घेवपाचें आवाहन केलें. "आयच्या नेटान बदलपी म्हायती संवसारांत, सतत शिकप गरजेचें. ही कार्यशाळा ग्रंथालय वेवसायिकांक तांची कुशळटाय अद्ययावत करपाक, आपलो वेवसाय वाडोवपाक आनी निमाणें आपल्या वापरप्यांक शक्य तितली बरी सेवा दिवपाक एक मोलादीक संद दिता. सगळ्या ग्रंथालयीन, शिक्षकांक आनी म्हायती वेवसायिकांक ह्या हातांतल्यान शिकपाच्या अणभवाचे पुराय फायदो घेवपाक हांव आवाहन करतां," अशें तांणी सांगलें.

**आदर्श सेवा फावंडेशन**

फोंडेच्या आदर्श सेवा फावंडेशन वतीन मोफत आरोग्य तपासणी शिबिर आणि दातांचे दुयेसाची तपासणी शिबिर हालीच फोंडा , हांगा आयोजित केले.ह्या शिबिराक डॉ मानसी राणे , डॉ संजना गावकर , हानी भलायकी आनी दांताची तपासणी केली. ह्या वेळार जाल्या उक्तावण सुवळ्यात सोयरे म्हणून समाज वावूरपी दीपिका केरकर तसेच वैभव शेट्ये, रुपेश कोठारकर,रियाज अहमद , शिवराज हिरेमठ,तुषार पंडित आणिआदर्श सेवा फावंडेशनांचे आदर्श तोरसकर हाजिर आशिलले.शिबिरांत क्लिनीकल दातांची तपासणी, शारिरीक तपासणी आनी बायला रोगाचेर मार्गदर्शन केले. शिबिरात सुमार 60 परस चड बायलांची तपासणी केली.

**पिसफुल सोसायटी**

मडकयच्या पिसफुल सोसायटी ह्या संस्थेन गोंय मुक्तीदिसाचे निमीत साधून 'गोंय मुक्ती आनी डॉ. राम मनोहर लोहिया ' ह्या विशयाचेर राष्ट्रीय चर्चसत्राचे आयोजन केल्ले. ह्या चर्चासत्रात प्रा. प्रजल साखरदांडे हांचे सुत्र उलोवप जाले. डॉ. राम मनोहर लोहिया हांच्या गोंय मुक्ती योगदाना विशीं खोलायेन अभ्यास

जावपाक जाय अशें मत प्रजल साखरदांडे हांणी उक्तायलें. ह्या चर्चा सत्रांत पिसफुल सोसायटीचे अध्यक्ष कलानंद मणी , इंदूरचे जेष्ठ पत्रकार श्रवण गर्ग , पत्रकार संजय शर्मा आनी अंबरीश मिश्र हांणी वाटो घेतलो. पोतुगींजाच्या सत्तेखाला आशिल्ले गोंय मुक्त करुक १५८३ त पयलो उठाव जालो. १७६७ पिंटोचे बंड , १८५० सावन राणेचे बंड अशी कितलीशीच बंडां जाली. सगळ्यांचे ध्येय गोयांक मुक्त करप इतलेच आशिल्ले अशे मत उलोवप्यांनी मांडले.